27th July 2026 8.40am

मुखेल खबरो

- सरकार आयज लोकसभेत भौशिक परीक्षा (अयोग्य मार्गांचो प्रतिबंध) सुधारणा विधेयक, २०२६ सादर करतलो.

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी परीक्षा पद्धत घटमुट करपाक, फामाद तंत्रज्ञ नंदन निले-कणी हांच्या फुडारपणाखाला, एक उच्च-स्तरीय कार्यगटाची स्थापना करपाची घोषणा केल्या.

- तरणाट्यांक देशातल्या सीमावर्ती गावांक भेट दिवन, तांका जाणून घेवचें, असो उलो प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी मारला.

- भारतीय हवामान खात्यान आयज ओडिशा आनी छत्तीसगडात घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास उक्तावन, कितल्याशाच जिल्ह्यांक रेड अलर्ट जारी केल्या.

- भारताची वेटलिफ्टिंग 'क्वीन' मीराबाई चानू हिने राष्ट्रकुल खेळा सर्तीत देशाखातीर, पयले भांगरापदक जिंकले.

Bill Loksabha Exam –

सरकार आज लोकसभेत भौशिक परीक्षा (अयोग्य मार्गांचो प्रतिबंध) सुधारणा विधेयक, २०२६' सादर करतलो. सोमारच्या कामकाजाच्या सूचीत, या विधेयकाचो आसपाव केला. हे विधेयक भौशिक परीक्षा (अयोग्य मार्गांचो प्रतिबंध) कायदो, २०२४'त सुधारणा करपाच्या उद्देशान हाडटा. केंद्रीय मंत्री डॉ. जितेंद्र सिंह हे विधेयक सादर करतले. शुक्रारा, केंद्रीय मंत्रिमंडळान जलदगती न्यायालयां स्थापन करपाक आणि प्रश्नपत्रिका फुटी प्रकरणांनी, कडक ख्यास्त दिवपाची तरतूद करपाक, विधेयकाच्या मसुद्याक मंजुरी दिल्या.

PM Video Task Force -

विघार्थांच्या कल्याणा खातीर भारत सरकार खुपशी पावलां उबारता. तातूंतले एक म्हळ्यार फास्ट ट्रॅक कोर्ट. ह्या विशी कडक कायदो करपाची सुचोवणी करतले. पुण, फुडाराचे चितुन परीक्षा पद्धत घटमुट, पारदर्शक करपाक आनी चडानचड तांत्रिक पद्धत हाडपाक, संसारीक फामाद तंत्रज्ञ नंदन निले-कणीच्या फुडारपणाखाला एक गट तयार करतले, अशे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी एका व्हीडीयोवरवी घोशित केला. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी परीक्षा सुधारणां खातीर एक उच्च-स्तरीय कार्यगटाची स्थापना करपाची घोषणा केल्या.

हो कार्यगट परीक्षांमधल्या सुधारणांचेर लक्ष केंद्रित करतलो आणि त्याच्या अहवालाच्या आधारान, आगामी परीक्षांची विश्वासार्हता सुनिश्चित करपाक बेगीनात बेगीन पावलां उबारतलो. देशाची परीक्षा प्रणाली विश्वासार्ह आनी पारदर्शक आसची आणि तातुंत तंत्रज्ञानाचो चडान चड वापर करचो, अशेय तांणी नमूद केले. या कार्यगटात आयबी (IB) चे माजी संचालक तपन डेका, इस्रोचे (ISRO) माजी अध्यक्ष एस. सोमनाथ आणि आयआयटी (IIT) चेन्नईचे संचालक व्ही. कामकोटी हाचो आसपाव आसतलो. याव्यतिरिक्त, शिक्षण विभागाची आदली सचिव अनिता करवाल आणि लॉजिस्टिक्स तज्ज्ञ अमृत लाल मीनाय या कार्यगटाचो भाग आसतले, अशेंय प्रधानमंत्र्यांनी मुखार सांगले.

विकसित व्हायब्रंट व्हिलेज PM -

'विकसित भारत' घडोवपाक देशातल्या तरणांट्यांची भूमिका अत्यंत महत्त्वाची आसा, अशे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी सांगले. तरणाटे हे फक्त विकसित भारताच्या निर्मिती फाटली शक्तीच न्ही तर ताचे सगळ्यात व्हड लाभार्थी आसात. जेन्ना तरुणांट्यांची ऊर्जा राष्ट्रीय आव्हानांचो फुडो करता तेन्ना, देशाचे भविष्य अधिक उज्ज्वल जाता, अशे तांणी म्हळे. 'विकसित व्हायब्रंट व्हिलेज' कार्यक्रमाबद्दल उलयताना ताणी म्हणाले की, देशातल्या सीमावर्ती गावांक भेट दिवपाक, ती समजून घेवपाक आणि तांचेकडे जोडपाक, तरणांट्यांक प्रेरित करपाच्या उद्देशान हो उपक्रम आखला. या कार्यक्रमाक व्हड प्रतिसाद मेळला, अशेंय प्रधानमंत्र्यांनी नमूद केले.

Rajnath singh Kargil -

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह हांणी परत एकदा स्पष्ट केला की, पाकिस्तानाकडे कसलीच चर्चा जावची ना आनी फुडारातुय कसलीय चर्चा जाली तर, ती फक्त 'पाकिस्तानव्याप्त जम्मू-काश्मीर'पुरतीच मर्यादित आसतली. हो वाठार भारताचो अविभाज्य घटक आसून, पाकिस्तानान ताचेर बेकायदेशीरपणान ताबो मेळयला, असे तांणी नमूद केले. लडाखातल्या द्रास हांगा आयोजित २७व्या कारगिल विजय दिवस सुवाळ्यात ते उलयताले. भारताच्या सार्वभौमत्वा आडच्या प्रत्येक कुटिल कृत्याक, त्याच कठोर आणि ठामपणान प्रत्युत्तर दितले ज्याप्रमाण भारतीय संरक्षण दलांनी 'ऑपरेशन सिंदूर'वरवी अतुलनीय शौर्य गाजयत, दहशतवादी आणि तांका आलाशिरो दिवप्यांक बुद्ध शिकयल्ली, संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह हांणी सांगलें.

पीएम विक्रम/ तिरंगा -

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी भारतीय विज्ञानीक आनी अभियंत्यांच्या जिद्दीची तोखणाय केल्या. तांचे खातीर देशान संरक्षण उत्पादन आनी अंतराळ मळार नवी तेंगशी गांठल्या अशें तांणी आकाशवाणीवेल्या मन की बात कार्यावळींतल्यान म्हळां.

तशेंच कारगिल विजय दिसा निमतान  देशाच्या शूरवीरांचो उगडास काडलो. भारत आपल्यो तांत्रिक क्षमता सेगीत घटमूट करीत आसा. विक्रम- वन हाचेविशीं उलयतना प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें, कि  (बायट- पीएम विक्रम 1)

राष्ट्रांत 7 ऑगस्टाक ‘राष्ट्रीय हातमाग दीस’ मनयतले. देशांत विणकारांची कुशळटाय ह्या दिसा मनयतात, अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें. हातमाग कारागिरींक प्रोत्साहन दिवन, ‘व्होकल फॉर लोकल’ जावपाची भावना आनीक घटमूट करची, अशें तांणी सांगलें. 15 ऑगस्ट भारताच्या स्वातंत्रताय दिसा निमतान उलयतना प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें, कि

प्रल्हाद जोशी -

नवे केंद्रीय शिक्षण मंत्री प्रल्हाद जोशी हांणी आपल्या पदाचो ताबो घेतलो. आदले शिक्षण मंत्री धर्मेंद्र प्रधान हांच्या राजिनाम्या उपरांत, मंत्री जोशी हांचे कडेन शिक्षण मंत्रालयाचो ताबो दिला. हे भायर तांचेकडेन  गिरायक वेव्हार, अन्न आनी भौशिक वितरण आनी नवीन आनी नविकरणीय ऊर्ज्या मंत्रालयालांचो ताबो आसा. पदभार घेतले उपरांत तांणीं सोमतीच शिक्षण मंत्रालयाच्यो वेगवेगळ्यो येवजण्यो आनी  मुखेल उपक्रमांच्या अंमलबजावणेचो नियाळ घेवपा खातीर, बसका घेतली. हे बसकेत शिक्षण राज्यमंत्री जयंत चौधरी आनी मंत्रालयाचे उंचेले अधिकारी हाजीर आशिल्ले. मंत्री प्रल्हाद जोशी हांणी ह्यावेळार सांगलें, कि

Chanu -

ग्लासगोत सुरु आशिल्या २०२६च्या राष्ट्रकुल खेळा सर्तीत, भारताची वेटलिफ्टिंग 'क्वीन' मीराबाई चानू हिने देशाखातीर पयले भांगरापदक जिंकले. बायलांच्या ४८ किल वजनी गटात वेटलिफ्टिंग स्पर्धेत, तिने एकूण १९० किल वजन उखलून विक्रम स्थापित केलो आणि आपले वर्चस्व सिद्ध केले. या ३१ वर्साच्या वेटलिफ्टरान 'स्नॅच' प्रकारात ८५ किल आणि 'क्लीन अँड जर्क' प्रकारात १०५ किलो वजन उखलून राष्ट्रकुल खेळा स्पर्धेतनवीन विक्रम नोंद केलो. उपराष्ट्रपती सी.पी. राधाकृष्णन आणि प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हाणी मीराबाई चानूच्या या यशाबद्दल परबी दिल्या. मीराबाई चानू हाणी देशाखातीर पदक मेळयल्या उपरांत, खोस उक्तायली.

मजगती, वेटलिफ्टिंगात भारतान आनीक दोन रुप्या पदकांय आपल्या नावार केली. दादल्यांच्या ६० किलो वजनी गटात, ऋषिकांता सिंह हाणें एकूण २६४ किलो वजन उखलून, दुसरे स्थान पटकायले आणि रौप्यपदक जिंकले. जाल्यार, राजा मुथुपंडी हाणे दादलांच्या ६५ किलो वजनी गटात, एकूण २८६ किलो वजन उखलून रुपया पदक जोडले.

हवामान -

भारतीय हवामान खात्यान आयज ओडिशा आनी छत्तीसगडात एकसुरे सुवातींनी घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास उक्तावन, कितल्याशाच जिल्हयां खातीर रेड अलर्ट जारी केल्या. खबरदारी खातीर राज्य सरकारान, काय जिल्हयांतल्यो सगळ्यो सरकारी आनी खाजगी शाळा, उच्च माध्यमीक संस्था बंद दवरपाचो आदेश दिला. मजगती, उदेंत उत्तर प्रदेश, अस्तंत बंगाल, कोंकण, गोंय, मध्य महाराष्ट्र आनी उत्तराखंडांत पावस पडपाची शक्यताय आसा.

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतुन एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- सरकार आयज लोकसभेत भौशिक परीक्षा (अयोग्य मार्गांचो प्रतिबंध) सुधारणा विधेयक, २०२६ सादर करतलो.

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी परीक्षा पद्धत घटमुट करपाक, फामाद तंत्रज्ञ नंदन निले-कणी हांच्या फुडारपणाखाला, एक उच्च-स्तरीय कार्यगटाची स्थापना करपाची घोषणा केल्या.

- तरणाट्यांक देशातल्या सीमावर्ती गावांक भेट दिवन, तांका जाणून घेवचें, असो उलो प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी मारला.

- भारतीय हवामान खात्यान आयज ओडिशा आनी छत्तीसगडात घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास उक्तावन, कितल्याशाच जिल्हयांक रेड अलर्ट जारी केल्या.

- भारताची वेटलिफ्टिंग 'क्वीन' मीराबाई चानू हिने राष्ट्रकुल खेळा सर्तींत देशाखातीर, पयले भांगरापदक जिंकले.